30th June 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- केंद्र सरकारान १ जुलै २०२६ सावन, पेट्रोल आणि डिझेलच्या विक्री आनी वितरणा विशी लागू केल्ले, तात्पुरते नियम फाटी घेवपाचो निर्णय घेतला.

- अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगला, कि राज्यांत समान नागरी संहिता चालीक लायतले.

- केंद्रीय माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान, भारतीय चित्रपट उद्योगाक चालना दिवपाच्या उद्देशान, दोन महत्त्वपूर्ण निर्णय जाहीर केल्यात.

- अफगाणीस्तनाच्या काय वाठारांनी पाकिस्तानान केल्ल्या, हवाई हल्ल्याचो भारतान खर निशेध केला. ह्या हल्ल्यात बायलां आनी भुरगीं सयत, कितल्याश्याच नागरीकांक मरण आयलां.

- फिफा विश्वचषकांत, ब्राझीलान जपानाचेर 2 आड 1 अशे जैत जोडून, Round of Sixteenनात पावलं घाले.

फ्युल Restrictions -

पेट्रोल आणि डिझेलच्या विक्री आनी वितरणा विशी लागू केल्ले तात्पुरते नियामक उपाय, फाटी घेवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्रालयान जाहीर केले की, १ जुलै २०२६ सावन भौशिक क्षेत्रातल्या तेल विपणन कंपन्यांच्या किरकोळ विक्री केंद्र पेट्रोल पंपांचेर 'मोटर स्पिरिट' म्हळ्यार (पेट्रोल) आणि 'हाय स्पीड डिझेल' विशीचे हे तात्पुरते उपाय रद्द करतले. या निवेदना प्रमाण, पश्चिम आशियातल्या संकटाक लागुन निर्माण जाल्या आडमेळीच्या काळात, आंतरराष्ट्रीय स्तरार इंधनाचे दर व्हडा प्रमाणात वाढले आसतानाय, सरकारान पेट्रोल आणि डिझेलचे किरकोळ विक्री दर स्थिर दवरून गिरायकांक त्यापासत संरक्षण दिले. हाका लागुन किरकोळ विक्रीचे दर आणि व्हडा प्रमाणात खरेदी करपी गिरायकांक लागू आशिल्ले दर, हाचे मदी व्हड तफावत निर्माण जाली. देशातल्या पेट्रोलियम उत्पादनांच्या पुरवण परिस्थितीचो आढावो घेतल्या उपरांत, जनहितार्थ हे तात्पुरते नियामक उपायांची आता, गरज नसल्याचो निष्कर्ष सरकारान काढला.

अस्तंत बंगाल यूसीसी -

अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगला, कि राज्यांत समान नागरी संहिता चालीक लायतले. ब्रेस्तरा जावपी नियोजीत राज्य मंत्रीमंडळ बसकेंत ह्या विधेयकाचो मसुदो प्रस्ताव मांडटले, अशें ताणी विधानसभेंत जाहीर केलें. गुजरात, उत्तराखंड, आसाम हांचो आदर्श घेवन, सर्वोच्च न्यायालयाची निवृत्त न्यायाधीश, जस्टीस रंजना देसाय हांच्या फुडारपणा खाला एक समिती तयार केल्या.

Vaishnav Movie Industry

केंद्रीय माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान भारतीय चित्रपट उद्योगाक चालना दिवपाच्या उद्देशान, दोन महत्त्वपूर्ण निर्णय जाहीर केल्यात. नवी दिल्लीत काल माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्या उच्च-स्तरीय आढावा बसकेत हे निर्णय घेतले. चित्रपट निर्मिती वाडोवप, वितरण व्यवस्था सुधारप आणि भारतीय चित्रपटसृष्टीच्या परिसंस्थेत आधुनिक तंत्रज्ञान आसपावप, या उपाययोजनांचेर या बसकेत भर दिलो. भारतीय चित्रपटसृष्टीक जागतिक स्तरार अधिक स्पर्धाक्षम करप, तसेच ल्हान शारां आणि ग्रामीण भागातल्या चित्रपट-विषयक मुळाव्या सुविधांनी गुंतवणुकीक प्रोत्साहन दिवप, हो या उपक्रमांचो उद्देश आसा, अशे मंत्रालयान म्हणला. मंत्रालयान राज्यांनी अंमलात हाडपाक 'आदर्श राज्य चित्रपट नियमन' तयार केला. हे नियम सगळ्या राज्य सरकारांकडे धाडुन ते स्वीकार करपाची विनंती केल्या. हातूंतल्यान एक मजबूत, आधुनिक आणि जागतिक स्तरार स्पर्धाक्षम असो भारतीय चित्रपट उद्योग उभारपाक मदत जातली.

मोदी Sachelles –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें की, तांणी आपल्या सेशेल्स भेटींतल्यान म्हत्वाचे परिणाम साध्य केल्यात, जाका लागून भारत आनी सेशेल्स हांचे मदली इश्टागत आनीक घटमुट जातली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान नमूद केले की, फाटल्या पन्नास वर्सांत, दोनूय देशां मदले संबंद खोलायेन विस्वास आनी सामायिक प्रगतीचेर आदारीत आसात. जाल्यार फुडली पन्नास वर्सां नाविन्य, शाश्वतता आणि सामायिक समृद्धीच्या दृष्टीन म्हत्वाचीं थारतली.

President Murmu -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सावन, आंध्र प्रदेशच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार वतात. राष्ट्रपती आज विजय-नगरम हांगा 'सेंट्रल ट्रायबल युनिव्हर्सिटी ऑफ आंध्र प्रदेश'च्या पयल्या दीक्षांत समारंभाक उपस्थित रावतल्यो. उपरांत, फाल्या अनंतपुरमात 'सेंट्रल युनिव्हर्सिटी ऑफ आंध्र प्रदेश'च्या पयल्या दीक्षांत सुवाळ्यात वाटेकर जातल्यो.

अफगाण पाकिस्तान -

अफगाण प्रदेशाचेर पाकिस्तानान केल्ल्या, हवाई हल्ल्याचो भारतान खर निशेध केला. ह्या हल्ल्यात बायलां आनी भुरगीं सयत, जायत्या नागरीकांक मरण आयलां. पाकिस्तानाची ही आक्रमक कृती, अफगाणिस्तानाच्या सार्व-भौमत्वाचेर हल्लो आनी प्रादेशिक शांतताय, स्थिरतायेक थेट धोको आसा, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां. अफगाणिस्तानाक भारताचो पुराय आदार आशिल्ल्याचे भारतान परतून सांगलें.

Shivraj -

कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान आजसावन, ईशान्य भारताच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार आसात. चौहान आसामातल्या गुवाहाटीत एका उच्च-स्तरीय नियाळ बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले. या बसकेत आसाम आणि लागीच्या भागांमधली पिकां, गावां आणि महत्त्वपूर्ण मुळाव्या सुविधांचेर हुंवाराचो जाल्लो परिणाम, तसेच सुरू आशिल्या मदतकार्याच्या प्रगतीचो नियाळ घेतले आणि मुखावेल्या उपाययोजनांचेर चर्चा करतले. मंत्री चौहान फाल्या, अरुणाचल प्रदेशात हुवारग्रस्त भागांक भेट दितले. हुंवारग्रस्त गावां, शेती आणि मदत छावण्यांची स्थिती जाणून घेवपाक, ते हवाय आणि जमिनीवेल्यान पळोवणी करतले. या दौऱ्या वेळार आवश्यक तात्काळ अतिरिक्त मदतीची गरज जाणून घेवपाक, ते बाधित शेतकार, थळावे नागरिक, बायला गट आणि तरुणांकडे थेट संवाद साधतले. उपरांत ते अरुणाचल प्रदेश सरकारचे मंत्री, वरिष्ठ अधिकारी आणि हेर लोकप्रतिनिधींशी कडे चर्चा करतले आनी पिकांचे नुकसान, बाधित शेतकऱ्यांक नुकसान भरपाय आणि पीक विम्याची रक्कम, हुंवारान नुकसान जाल्ले रस्ते, पूल हांची दुरुस्ती, तसेच ग्रामीण मुळाव्या सुविधांच्या पुनर्बांधणीच्या धोरणांर लक्ष केंद्रित करतले.

JP नड्डा -

सरकारान प्राथमीक, माध्यमीक भलायकी सेवांचो विस्तार करून, देशाची भलायकी वेवस्था खूब घटमूट केल्या, अशे केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'सेंट्रल काउन्सिल ऑफ हेल्थ अँड फॅमिली वेलफेअर' च्या सोळाव्या अधिवेशनांत उलयतना, मंत्री नड्डा हांणी सांगलें, कि नागरिक आनी भलायकी वेवस्थे मदलो पयलो संपर्क बिंदू म्हूण, 1.86 लाख 'आयुषमान आरोग्य मंदिर' स्थापन केल्यात.

ब्रिक्स जीसीसीआय -

ब्रिक्स चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीच्या शिष्टमंडळान, नवी दिल्लीत विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हांची भेट घेतली. या बसकेत, नवोन्मेष, स्टार्टअप्स, उदेते तंत्रज्ञान, संशोधन सहकार्य आणि उद्योजकते च्या माध्यमातल्यान ब्रिक्स आणि ब्रिक्स प्लस परिसंस्थांमदी, उद्योग-फुडारपणाखाला जागतिक सहभाग आणि सहकार्य, अधिक मजबूत करपाचेर लक्ष केंद्रित केले. बसकेत उलयताना डॉ. सिंह हाणी म्हणले की, जागतिक नवोन्मेष केंद्र म्हणून भारताची वाढती प्रतिष्ठा ही तंत्रज्ञानाचे फुडारपण, आणि जागतिक विकासात योगदान दिवपी अधिक मजबूत, आंतरराष्ट्रीय भागीदारी निर्माण करपी एक आदर्श संध उपलब्ध करून दिता.

बॅडमिंटन -

बॅडमिंटनात, भारतीय खेळाडू किदाम्बी श्रीकांत हाणें यूएस ओपनातल्या दादल्यांच्या एकोडी सर्तींत उपविजेतेपद पटकावन रुप्या पदक मेळयलें. श्रीकांतान चीनी तैपेईच्या सु लीक १५-२१, २१-१६ आणि ९-२१ अशा फरकान हारयलो.

फिफा -

फुटबॉलांत काल रातीं अमेरिकेंतल्या टेक्सासांत, ह्यूस्टन स्टेडियमांत जाल्ल्या, फिफा विश्वचषकांच्या 32व्या फेरयेंत, जपानाचेर पांच फावटीं जैत मेळयल्ल्या ब्राझीलाच्या, गॅब्रिएल मार्टि-नेलीन जैतिवंत गोल करून जपानाचेर 2-1 अशे जैत जोडले.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज ईशान्य भारत, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, बिहार, कोंकण, गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक, केरळ आनी माहे ह्या वाठारांनी दडकानी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन ऑरेंज अलर्ट जरी केला. गुजरात, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, झारखंड, बिहार, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड ह्या वाठारांनी नैऋत्य पावसा आनीक मुखार वचपा खातीर परिस्थिती अनुकूल आसा, अशें हवामान खात्यान सांगलां. हवामान खात्यान दिल्ली, हरियाणा आनी चंडीगढात उश्णताय ल्हारांचो अदमास काडला. फुडल्या तीन ते चार दिसांत वायव्य भारतात चडांत चड तापमान 4 ते 5 अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलां.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- केंद्र सरकारान १ जुलै २०२६ सावन, पेट्रोल आणि डिझेलच्या विक्री आनी वितरणा विशी लागू केल्ले, तात्पुरते नियम फाटी घेवपाचो निर्णय घेतला.

- अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगला, कि राज्यांत समान नागरी संहिता चालीक लायतले.

- केंद्रीय माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान, भारतीय चित्रपट उद्योगाक चालना दिवपाच्या उद्देशान, दोन महत्त्वपूर्ण निर्णय जाहीर केल्यात.

- अफगाणीस्तनाच्या काय वाठारांनी पाकिस्तानान केल्ल्या, हवाई हल्ल्याचो भारतान खर निशेध केला. ह्या हल्ल्यात बायलां आनी भुरगीं सयत, कितल्याश्याच नागरीकांक मरण आयलां.

- फिफा विश्वचषकांत, ब्राझीलान जपानाचेर 2 आड 1 अशे जैत जोडून, Round of Sixteenनात पावलं घाले.

-----------